**महात्मा गांधी जयंती निमतान राज्यपालाचो संदेश**

ता. 1 ऑक्टोबर 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी महात्मा गांधी जयंती निमतान गोंयच्या लोकांक आपलो संदेश दिला. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, 2 ऑक्टोबराक महात्मा गांधीजींच्या जयंती दिसा आमी राष्ट्रपीता मोहनदास करमचंद गांधी हांका भावपुर्ण आदरांजली ओपतात. तांचो जल्म दीस आंतरराष्ट्रीय अहिंसा दीस म्हुण पाळटात.

राज्यपाल फुडें म्हणटा, महात्माजींचे विचार आनी कार्य इतले व्हड आनी भव्य आसा, की जीणेचो असो खंयचोच भाग ना जो आयज गांधीवादी विचारधारेन प्रभावित जायना. स्वातंत्र्याखातीर लडपाक तांच्या सत्य आनी अहिंसेच्या शस्त्रान संवसारभरातल्या अनेक फुडाऱ्यांक प्रेरणा दिली.

हातमाग आनी विणकाम हे स्वावलंबन आनी स्वशासनाखातीरच्या तत्वाक लागू जाता. तांच्या तत्वानुसार मुळाव्या शिक्षणाखातीर मातृभाशेचे माध्यम आसपाक जाय. तांणी आपल्या जीणेत स्वच्छता आनी नितळसाणीचो उपदेश दिलो आनी स्वता आचरण केले. आयज स्वच्छ भारत अभियान गांधीवादी तत्वांचेर आदारीत आसा. तांका भारत अस्पृश्यतेच्या अनिष्ट प्रथेपासून मुक्त जाल्लो जाय आशिल्लो. दलीत आनी दुबळ्यां घटकांच्या हक्कांखातीर तांणी लढो दिलो. “भलायकी हीच खरी संपत्ती आसा” हो तांचो नारो आशिल्लो आनी आयज कोविड म्हामारीच्या काळांत तो म्हत्वाचो आसा. आयज प्रत्येकान सुरक्षितता आनी नितळसाणीची सवय लावन घेवपाक जाय.

राज्यपाल म्हणटा, हांव सगळ्यां लोकांक आनी संस्थांक योग्य कार्यक्रमांचे आयोजन करून गांधी जयंती मनोवची आनी गांधीजींच्या तत्वांचे आचरण करपाचो उलो मारता. आमचे प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी मारिल्लो 'आत्मनिर्भर भारत' म्हणळ्यार स्वावलंबी भारताखातीर मारिल्लो उलो गांधीवादी विचार आनी भारतीय नीतीमत्तेचे फलीत आसा.

गांधी जयंतीच्या प्रसंगार आमच्या देशाचे स्वातंत्र्य मेळोवपाखातीर महात्मा गांधीजीन केल्ल्या त्यागाचो उगडास करतना आमी तांच्या मूल्यांचे, तत्वांचे आनी तत्वज्ञानाचे पालन करपाचो सोपूत घेवया, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/813

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji